16.09.2025 7.20pm

100 तुहीन सिन्हा

सुधारीत gst चो लाव सर्वसामान्यांक खुब बऱ्या पद्धतीन जातलो असो विस्वास भाजपाचे राश्टीय म्हणयारे तुहीन सिन्हा हांणी आयज व्यक्त केला. ते पणजे भाजप कार्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार उलयताले. gst तल्यान आयील्ल्या येनावळीतल्यान बऱ्यो साधन सुविधा भाजपाच्या सरकार नागरीकांक दीला अशे तांणी म्हणला. 2017 वर्सा जेन्ना gst लागु केल्ली त्यावेळार देशभरात 65 लाखनोंदणीकृत gst accounts आसले, जाल्यार हांतुल्ल्यान 7 lakh crore रूपया येनावळ सरकाराक येताली. आता हो आकडो वाडला ,लेखी नोंदीप्रपमाण सध्याक 1 crore 51 lakh नोंदणीकृत gst accounts आसात जाल्यार हातुल्ल्यानन 22 लाख कोटी रूपया इतकी येनावळ मेळटा अशे तांणी म्हणला. हयावेळार गोंय प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक,तशेंच आमदार दाजी साळकार,भाजपाचे फुडारी सिद्धार्थ कुंकळ्येकार, हाजीर आशील्ले.

110 मंत्री रोहन खंवटे

गोंय हे संसारभर रामाद आशील्ले नामनेचे पर्यटन थंळ.sun sand and sea सयत गोंयात adventure, wellness तशेंच खाणा जेवणाचे केंद्र जावपाची ताक आसा अशे विधान पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला. ते गोंयात national resturant association of India वतीनापणजे आयोजीत खासा परीशदेवेळार मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.हयावेळार संघटनेचे अध्यक्ष सागर दर्यानी,तशेंच पणजी म्हापालीकेचे मेयर रोहीत मोन्सेरात तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.गोंयच्या कलीनरी मळावेचेर सुमार 40 % लोक जोडील्ले आसात अशे मंत्री रोहन खंवटे हांणी हयावेळार म्हणला. आयज आनी फाल्या ही परीशद चलतली. ह्या परीशदेत hospitality indutry तल्या सुमार 1500 प्रतीनीधीनी वाटो घेतला.जाल्यार ह्या मळावेले सुमार 60 तज्ञ हयावेळार मार्गदर्शन करतले.

कलकत्ता,हैदराबाद चेन्नय उपरांत गोयात ह्या समीटाच्या चवथ्या आवृत्तीचे आयोजन केला.

सुभाष शिरोडकर

सरकारी अधिकाऱ्यांक तांचे काम आनी कर्तव्य योग्य तरेन करपाक सोपे जावचे खातीर तांच्या कामाखातीर स्पश्ट मार्गदर्शक तत्वां लागू करपाची गरज आसून

कामाचो प्राधान्यक्रम, तांची भूमिका वा विशेश उद्दीश्ट थारावप अशा गजालींचो मार्गदर्शक तत्वांनी आस्पाव आसपाक जाय, अशें जलसंपदा मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी सांगलें.जलसंपदा मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर काल पर्वरी हांगाच्या सिंचाई भवनात आयोजीत  अभियंता कार्यक्रमात मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. भारतातले म्हान अभियंते आनी दूरदर्शी श्री. मोक्षगुंडम विश्वेश्वरय्या हांच्या जयंती निमतान हो दीस मनयतात.कार्यक्रमाक उदकास्त्रोत खात्याचे सचीव श्री सरप्रीत सिंग गिल, खात्याचे मुख्य अभियंता ज्ञानेश्वर सालेलकर, अतिरिक्त मुख्य अभियंता अंकुश गावकर, कार्यक्रमाचे मुखेल वक्ते गोय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाचे प्राध्यापक डॉ. पूर्णानंद सावईकर, निवृत्त मुख्य अभियंता श्री प्रमोद बदामी, श्रीमती स्मिता देसाय आनी हेर अधिकारी  उपस्थित आशिल्लें.

150 सुभाष फळसाय

जहाज बांधणी, दर्यातले पर्यटन, तशेच थळाव्या नुस्तेमारी समाजांक आदार दिवपा खातीर गोंय सरकार State Maritime Boardची थापणूक करतलें अशी म्हायती न्हंय येरादारी मंत्री सुभाष फळसाय हांणी दिल्या, Maritime क्षेत्रात नोकरीची संध्यो आसाता, तांचो तरणाट्यांनी लाव घेवपाक जाय. तशेंच  ह्या मंडळाच्या थापणुकेचो व्हड उद्देगांक आनी ल्हान उद्देगांक फायदो जातलो अशे मंत्री फळदेसाय हांणी म्हणला..    गंय सरकार जहाज बांदकामाचो पदवी अभ्यासक्रम सुरू करपाचोय  यत्न करीत आसा. जहाज बांदकाम परिशद – दर्यावेल्या अमृत काल व्हिजन 2047 कडेन भारताचो जहाज बांदपाच्या कार्यावळीते ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. जाल्यार भारत सरकारान नोडल एजन्सी म्हूण नेमिल्ल्या कोची मेट्रो रेल लिमिटेडच्या तज्ञ पंगडान गोंयांत water mass transit system चालीक लावपा खातीर अभ्यास सुरू केला अशी म्हायती मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी  मंत्रालयात  ह्या शिश्टमंडलाकडे बसका घेतल्या उपरांत दिल्या. हो पंगड सद्याच्या उदका येरादारीचे मुल्यांकन करतलो आनी राज्यांतल्या पर्यटनाक चालना दिवपी water mass transit system तयार करपा खातीर मुळाव्यो साधनसुविधा, बोटींच्या प्रकारांत आनी पर्यावरणाक अनुकूल उपायांत सुदारणा सुचयतलो अशें तांणी सांगलें.

90 गोंय क्रिकेट संघटण

गोंय क्रिकेट संघटणेचे आयज जाल्ले वेंचणुकेंत चेतन देसाय हांच्या पॅनलान परिवर्तन गटाक हारयलें आनी ही वेंचणूक जिखली. अध्यक्षपदाचे वेंचणुकेंत चेतन देसाय पॅनलचे महेश देसाय हांणी  परिवर्तन पॅनलाचे महेश कांदोळकर हांकां हारयले. चेतन देसाय पॅनलचे सगले उमेदवार जैतिवंत थारले. हे वेंचणुकेंत सगल्या 107 क्लबांच्या प्रतिनिधींनी मतदान केलें.अध्यक्ष : महेश देसाय, उपाध्यक्ष : परेश फडते ,सचीव :  तुळशीदास शेट्ये, सहसचीव : अनंत नायक ,भांडारी : सय्यद अब्दुल माजीद आनी वांगडी पदाच्या वेंचणुकेत महेश बेहकी हांका जैत मेळ्ळा. राज्यातले क्लब तशेच क्रिकेट खातीर वावूर करपाक मझे प्राधान्य आसतलें, अशें नवे अध्यक्ष चेतन देसाय हांणी सांगलें.

120 ‘गोवाग्राम’

राज्य सरकाराच्या वजन आनी माप खात्यान गिरायक जागृताय करपा खातीर ‘गोवाग्राम’ ह्या ई नेमाळ्याची पांचवी आवृत्ती उजवाडायल्या. गिरायक जागृताय, गिरायकांचो आवाज वाडोवप हे केंद्रीय संकल्पने खाला गिरायक चळवळींत मुखार आशिल्ल्या जायत्या जाणांचे लेख गोवा ग्रामाच्या पांचव्या आवृत्तींत उजवाडाक आयल्यात. आयच्या काळांत गिरायकांक जाय आशिल्लो माल आनी वस्तु सहजपणान मेळटा आनी ताचे खातीर गिरायकांनी चड जागृत आनी सादूर रावपाक जाय अशें वजन आनी माप विभागाचे निरिक्षक, नेमाळ्याचे संपादक अरुण पंचवाडकार हांणी गोवाग्राम ह्या ई नेमाळ्याच्या संपादकीयांतल्यान सांगलां. ह्या नेमाळ्यांत गिरायकांच्या समस्यांक जापो दिल्यात आनी गिरायकांक मार्गदर्शन करून राज्यांत गिरायक जागृताय वाडोवपाचें काम सुरू आसा. ह्या नेमाळ्याची प्रत राज्यांतल्या सगल्या उच्च माध्यमीक शाळांक ईमेल वरवीं धाडटात. राज्य सरकाराच्या वजन आनी माप खात्यान विद्यार्थ्यांक ताचो वापर करूंक आनी प्राचार्यान विद्यार्थ्यांक हें नेमाळें वाचपाक प्रोत्साहन दिवचें अशें आवाहन केलां.

मिशन रेबीज

पशुपालन आनी पशुवैजकी सेवा खात्यान, पणजीच्या मिशन रेबीजच्या सहकार्यान संवसारीक रेबीज दिसा जागृताय मोहीम जशी रॅली, उलोवप, पॅम्फ्लेट वांटप, रेबीज विशीं म्हायती उजवाडावप, वेगवेगळ्या थळाव्या संस्थांनी, माध्यमीक आनी उच्च

माध्यमीक शाळांनी सुण्यांच्या चाबपा विशीं म्हायती उजवाडावप, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांनी भौसाक/विद्‍यार्थ्यांक सुण्यांच्या वागणुके विशीं शिक्षण दिवपाची येवजण आंखल्या. ही मोहीम दक्षिण गोंयच्या 4 तालुक्यांनी म्हळ्यार सालसेटे, सांगुएम, क्वेपेम आनी मरमुगांवांत 28 सप्टेंबर 2025 सावन सुरू जातली.तशेंच ह्या चार तालुक्यांनी संवसारीक रेबीज दिसा सावन म्हळ्यार 28 सप्टेंबर 2025 सावन सुरू जावन स म्हयने सुण्यांक दारांतल्यान दारांत लस दितले.

सुण्यांच्या चाबण्याचे दुर्येंती वाडत आशिल्ल्यान पोंडा तालुक्यांत सुण्यांचें निर्जंतुकीकरण शिबिर घडोवन हाडटले. ह्या शिबिराचें उक्तावण मुख्यमंत्री 29 सप्टेंबर 2025 दिसा सकाळीं 10.00 वरांचेर राजीव कला मंदिरांत करतले आनी उल्लेख केल्ली निर्जंतुकीकरण मोहीम एक म्हयनो चालू उरतली.

मडगाव : मडगावचो राजा म्हणून फामाद आशिल्ल्या दावरली हांगाच्या श्री समर्थगड देवळातल्या २१ दिसांच्या गणपतीचे आज विसर्जन जावपाचे असून सध्या ही विसर्जन मिरवणूक चालू आसा. ह्या मिरवणुकेत हजारांनी भाविक मोठे उमेदीन सामील जाल्यात.

आज दनपरा श्री समर्थ मंदिराकडल्यान ही मिरवणूक सुरू जाली. मडगाव बाजाराक फेरो मारून ही मिरवणूक दामबाब तळयेर येतली. राती उसरा हे तळयेत गणपतीचे विसर्जन जातले.